**दूरदर्शन आनी आकाशवाणीचेर वेंचणूक प्रचाराखातीर  डिजिटल टाइम व्हॉउचर जारी करतले**

ता. 21 जुलय  2023

दूरदर्शन आनी आकाशवाणीचेर वेंचणूक प्रचाराखातीर राजकीय पक्षांक आता ऑनलाइन पद्दतीन वेळ दिवपाची वेवस्था आसतली, अशी म्हायती केंद्रीय वेंचणूक आयोगान दिल्या.  वेंचणूक आयोगान राजकीय पक्षांवतीन सरकारी मालकीच्या इलेक्ट्रॉनिक मीडिया वापरा खातीरच्या येवजणेत सुदारणा केल्या.  माहिती तंत्रज्ञान (IT) प्लॅटफॉर्मावरवीं  डिजिटल टाइम व्हॉउचर जारी करपात येतले. ह्या वेवस्थेक लागून राजकीय पक्षांक वेंचणूकेच्या काळांत  वेळेचे व्हॉउचर व्हरपाखातीर आपल्या प्रतिनिधींक वेंचणूक आयोग/मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या  कार्यालयात धाडपाची गरज लागची ना. ही वेवस्था वेंचणूक  प्रक्रिया सुदारणेचो एक भाग आसा. तंत्रज्ञानाचो वापर करून आयोगावतीन वेंचणूक प्रक्रियेत अनेक सुदारणा करपात येतात.

वेंचणूक आयोगान राजकीय पक्षांकडेन संवाद साधपाखातीर म्हायती तंत्रज्ञानाचो पर्याय उपलब्ध केला. तशेंच राजकीय पक्षांकडल्यान आर्थिक वेव्हाराची म्हायती दिवपाखातीर ऑनलाइन वेब पोर्टल सुरू केला.

दूरदर्शन आनी आकाशवाणीचेर वेंचणूक प्रचाराखातीर ऑनलाइन पद्दतीन वेळ दिवपाची वेवस्था केल्ल्यान वेंचणूक प्रक्रियेत सुदारणा जावपा वांगडाच राजकीय पक्षांकय सुलभ जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/581

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.